11th October 2026 8.40am

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक

राष्ट्रीय खबरो दिता.

मुखेल खबरो

**- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज तमिळनाडूच्या चेन्नयत, 13 हजार कोटी रुपयांच्या प्रकल्पांचें उक्तावण करतले.**

**- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी नवरात्रे निमतान, देश वासियांक परबीं दिल्यां.**

**- प्रधानमंत्री धन-धान्य कृषी येवजणेक, आयज एक वर्स पुराय जालां.**

**- दादल्यांच्या क्रिकेटांत आयज, इंदौरांतल्या होळकर स्टेडियमाचेर, तिसरे टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारत, वेस्ट इंडीजा आड खेळटलो.**

**- भारतीय हवामान खात्यान आयज कोंकण आनी गोंयात एकसुरे सुवातेर, उश्ण आनी दमट हवामानाची स्थिती आसपाची शक्यताय उक्तायल्या.**

------------------------------------------------------

PM Chennai

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज तमिळनाडूच्या चेन्नय शारांत, 13 हजार कोटी रुपयांच्या प्रकल्पांचें उक्तावण करतले. सुमार 4 हजार 900 कोटी रुपयांच्या खर्चान बांदिल्ल्या, चेन्नई मेट्रो रेल्वे प्रकल्पाच्या, मेट्रो रेल्वे सेवेक प्रधानमंत्री पांचवो बावटो दाखयतले. तशेंच पोरूर बायपास स्टेशन ते पून-मल्ली बायपास स्टेशन आनी परत, अशे चेन्नई मेट्रोचेर प्रधानमंत्री मोदी प्रवास करतले. पूनमल्ली-पोरूर मार्गांत, 3 पूज्य 7 किमी. लांबायेची एक वैशिष्ट्यपूर्ण डबल डेकर बांदावळ आसा, जी चालक नाशिल्ल्या रेल्वे प्रणालीक आदार दिवपी, प्रगत सिग्न-लिंग प्रणालीन सज्ज आसा. अमृत भारत स्टेशन येवजणे खाला, परतून विकसीत केल्ल्या पलाणी, वेल्लोर छावणी, अंबासा-मुद्रम, परमा-कुडी आनी नम-क्कल हांगा, पांच अमृत स्टेशनां सयत, 750 कोटी रुपयां परस चड मोलाचे रेल्वे मुळाव्या साधनसुविधा प्रकल्पांचे प्रधानमंत्री उक्तावण आनी लोकार्पण करतले. प्रधानमंत्री पोरूर तळ्या लागसार आशिल्ल्या, जल-कंदेश्वर देवळांत दर्शन घेवन पूजा करतले.

------------------------------------------------------

PM धन-धान्य येवजण

प्रधानमंत्री धन-धान्य कृषी येवजणेक, आयज एक वर्स पुराय जालां. देशभरांतल्या 100 आकांक्षी शेतकी जिल्ह्यांनी, शेती घटमूट करपा खातीर फाटल्या वर्सा ह्या दिसा, ही येवजण सुरू जाल्ली. जिल्हो-विशिश्ट शेतकी गरजो भागोवपा खातीर, हे येवजणेन राज्य येवजण्यो आनी खाजगी क्षेत्रांतल्या सहभागा वांगडाच, 11 मंत्रालयां आनी खात्यांतल्यो 36 केंद्रीय येवजण्यो एकठांय केल्यात, अशें आमच्या प्रतिनिधींन अहवाल सांगला.

-----------------------------------------------------

पीएम नवरात्रि

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी नवरात्रे निमतान लोकांक परबीं दिल्यांत. सोशल मिडिया पोस्टांत प्रधानमंत्र्यानी, माँ जगदंबेच्या आशीर्वादाक लागून सगळ्यांक सुख, शांती, समृध्दी आनी बरी भलायकी मेळटली, अशी आस्त उक्तायल्या. तशेंच ह्या उत्सवाक लागून, राश्ट्रीय एकचाराची भावना आनी देशाचे प्रगतीचो संकल्प घटमूट जातलो ,अशीय इत्सा प्रधानमंत्र्यांनी उक्तायली.

-----------------------------------------------------

शिवराज सिंह चौहान

विरोधी पक्ष घटनात्मक संस्था दुबळी करता आनी लोकशायेवेलो लोकांचो विश्वास डळमळीत करता, असो आरोप केंद्रीय शेतकी मंत्री शिवराज सिंह चौहान हांणी भोपाळांत पत्रकार परिशदेंक संबोधीत करतनां केला. हें सगळें परकीय शक्तींच्या फाटबळान करता, असो दावो केंद्रीय मंत्र्यांनी केला. हे विशीं उलयतनां मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी मुखार म्हळें, कि

-----------------------------------------------------

Delhi Protest Geneva

दिल्लींत काल घडिल्ल्या घडणुके संबंदी, संयुक्त राष्ट्रांच्या मानवी हक्क उच्चायुक्त कार्यालयान उक्तायल्लो हुस्को, चुकीचो आसा. आनी तो देशाच्या अंतर्गत वेव्हारांत बेकायदेशीर हस्तक्षेप थारता, अशें भारतान सांगलां. उच्चायुक्त कार्यालयान हेर कडेन,

व्हड प्रमाणांत जावपी निशेधांचेरूय लक्ष दिवचें, अशे जिनीव्हांतल्या Permanent Mission of Indiaन एका निवेदनांत म्हणलां.

---------------------------------------------------

Gurudwara AAP Protest

दिल्ली शीख गुरूद्वारा वेवस्थापन समितीचे अध्यक्ष हरमीत सिंग कलका हांणी, आम आदमी पक्षाच्या कांय फुडाऱ्यांनी गुरूद्वारा बांगला साहिबाच्या आवारांत भितर सरून, पुलिसांक प्रवेश दिवपाच्या प्रस्नाचेर राजकारण केल्ल्याचो निशेध केला. निदर्शक प्लेकार्ड घेवन, गुरूद्वारात जबरदस्तीन, भितर सरले, अशें कालका हांणी सांगलें. गुरूद्वाराच्या आवारांत खंयच्याय प्रकारचो निशेध करपाक, परवानगी दिवंक मेळना. परिस्थिती पळोवन गुरद्वारा समितीन, पुलिसांक आपोवन तांकां परिसरांतल्यान भायर काडपाक सांगले, अशी म्हायती हरमीत सिंग कलका हांणी दिली.

---------------------------------------------------

सेवा संकल्प अभियान ट्रिपल तलाक

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी भौशिक लोकसेवेंतली आपली 25 वर्सा पुराय केल्यात. हो प्रवास जनसेवेतल्यान राष्ट्रसेवा, या मंत्रान आणि अविरत समर्पणाच्या भावनेन घडला. सेवा आणि सुशासनाच्या याच दृष्टिकोनातल्यान प्रेरित जावन, सरकार २०४७ मरेन विकसित भारत हे उद्दिष्ट साध्य करपाक अथक यत्न करता. सर्वसमावेशक विकास आणि सामाजिक सक्षमीकरणाच्या माध्यमातल्यान, ही निष्ठा लोकांचे जीवन बदलता. आयज आमच्या ह्या खाशेल्या माळेंत आमी 'मुस्लिम बायलां (लग्ना उपरांत हक्कांची राखण) कायदो, 2019' वरवीं ही, नदर कशी कृतींत रुपांतरीत जाली, हाची एक देख सादर करतात. भारतांतल्या मुस्लिम बायलेक, एकूच उतर तीन फावट उच्चारून, कसलेच कारण वा पूर्वसूचना दिनासतना आनी उपरांत कसलोच आदार दि-नासतना घटस्फोट दिवंक मेळटालो. मुस्लिम बायलां (लग्ना उपरांत हक्कांची राखण) कायदो, 2019 वरवीं, तात्काळ तलाक रद्द केलो. आनी ताचो उच्चार करप्यांक तीन वर्सां मेरेन बंदखण आनी दंड भरपाचो गुन्यांव थारायलो. ह्या कायद्याखाला बायलेच्या फुडल्या जिविताची, वेवस्था करपाची तरतूद जाली. जाकालागून बायलेक उदरनिर्वाह भत्तो आनी तिच्या अल्पवयीन भुरग्यांचो ताबो दिवचो, हो अधिकार मेळ्ळो. अशे तरेन, ज्या बायलांक कायद्यान खूब आदीं सोडून दिल्ले, तांकां  घटनात्मक संरक्षण मेळ्ळें.

---------------------------------------------------

Northern Railway

उत्तर रेल्वेन आयज सगळ्यो रेल्वे सेवा, तांच्या सामान्य वेळापत्रका प्रमाण चलतल्यो, अशें जाहीर केलां. काल सकाळीं 4 ते दनपारां 2 वरां मजगतीं, नवी दिल्ली आनी हजरत निजामुद्दीन रेल्वे स्टेशनाचेर पावपाचीं मेल आनी एक्सप्रेस गाडयो रद्द करपाचो निर्णय, रेल्वेन घेतिल्लो.

---------------------------------------------------

Delhi metro

सुरक्षा कारणांक लागून बंद आशिल्ल्या सगल्या 45 मेट्रो स्टेशनांचे प्रवेश आनी भायर सरपाची गेट आतां उक्ती आसा, अशें दिल्ली मेट्रो रेल्वे म्हामंडळान कळयलां. संबंदीत सगल्या मेट्रो स्टेशनांचेरय, 'इंटरचेंज' सुविधा उपलब्ध आसा, अशें तांणी म्हणलां.

---------------------------------------------------

राजनाथ सराव तरंग

आधुनिक युद्धपद्धती आनी संवसारीक सुरक्षा वेवस्थेंतल्या व्हड बदलांच्या फांटभुयेर, भारत आपल्या शेजारच्या आनी त्या-पलतडच्या क्षेत्रांतल्या घडामोडींचेर तशेंच तांचे धोरणात्मक परिणाम हांचेर बारीकसाणीन लक्ष दवरून आसा, अशें मत संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांणी उक्तायलें. जोधपूर वायू दळाच्या तळाचेर आयोजित केल्ल्या 'सराव तरंग शक्ती २०२६' हे कार्यावळींत ते उलयताले. आत्मनिर्भर भारताच्या संकल्पनेंतल्यान प्रेरणा घेवन, भारतीय सशस्त्र दळाची रचणुक, क्षमता आनी धोरणात्मक दृष्टिकोन हातूंत मूलभूत परिवर्तन जालां, अशें मंत्री सिंग हांणी सांगलें. 'आत्मनिर्भर भारत' म्हणजे भारताक जगापासून वेगळे करप न्हय, अशेंय संरक्षण मंत्र्यांनी नमूद केलें. संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांणी मुखार सांगलें, कि

---------------------------------------------------

Cricket

दादल्यांच्या क्रिकेटांत आयज, इंदौरांतल्या होळकर स्टेडियमाचेर, तिसरे टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारत, वेस्ट इंडीजा आड खेळटलो. हि match सांजे ७ वराचेर सुरु जातली. शुक्रारा सांजवेळा रांचींत जाल्ले दुसरे टी-20 मॅचींच, वेस्ट इंडीजान भारताक

स विकेटींनी हारयले. उपरांत पांच मॅचींची हि मालिका 1 आड 1 अशी बरोबरीचेर आसा.

-----------------------------------------------------

हवामान

भारतीय हवामान खात्यान  फाल्यां मेरेन केरळम, माहे, लक्षद्वीप, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल वाठारांत वीज आनी वादळी वाऱ्या वांगडा, गडगड मारपाचो अदमास उक्तायला. ह्याच काळांत आंध्र प्रदेश, झारखंड, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा, ओडिशा आनी अस्तंत राजस्थान वाठारांत अशीच हवामानाची स्थिती आसतली. तशेंच दर्यादेगेवेलो कर्नाटक, कोंकण आनी गोंयत आयज एकसुरे सुवातेर उश्ण आनी दमट हवामानाची स्थिती आसपाची शक्यताय IMDन उक्तायल्या.

-----------------------------------------------------

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज तमिळनाडूच्या चेन्नयत, 13 हजार कोटी रुपयांच्या प्रकल्पांचें उक्तावण करतले.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी नवरात्रे निमतान, देश वासियांक परबीं दिल्यां.

- प्रधानमंत्री धन-धान्य कृषी येवजणेक, आयज एक वर्स पुराय जालां.

- दादल्यांच्या क्रिकेटांत आयज, इंदौरांतल्या होळकर स्टेडियमाचेर, तिसरे टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारत, वेस्ट इंडीजा आड खेळटलो.

- भारतीय हवामान खात्यान आयज कोंकण आनी गोंयात एकसुरे सुवातेर, उश्ण आनी दमट हवामानाची स्थिती आसपाची शक्यताय उक्तायल्या.

-----------------------------------------------------